# उजो आनी आपतकालीन सेवा संचालनालया वतीन रक्तदान शिबीर जाले

ता. 21 एप्रिल 2025

उजो आनी आपतकालीन सेवा संचालनालयान उजो प्रतिबंद सप्तक कार्यक्रमाचो एक भाग म्हूण हालीच गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाच्या जोड पालवान रक्तदान शिबीर आयोजीत केल्ले. ह्या रक्तदान शिबीरात अधिकारी आनी कर्मचारी मेळून 60 जाणांनी रक्तदान केले.

संचालनालयाच्या प्रशिक्षण केंद्रात आयोजीत केल्ल्या रक्तदान शिबीराचे उक्तावण संचालक नितीन रायकर हांच्या हस्तुकीं जाले. उपसंचालक राजेंद्र हळदणकर, अधिकारी श्रीपाद गावस, फ्रासिस्को मेंडीस, बॉस्को फेर्राव, जीएमसी च्या रक्तपेडीचे वैजकीय अधिकारी डॉ. संजय कोरगांवकर ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/378

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.